Akashvani Panaji Regional news 6 september 2025 7.25 am

Rashmi

गोंयांत 140 सरकारी जाल्यार 700 सरकारी अनुदानित शाळा आसा. मात कांय पालक आपल्या भुरग्यांक सराकरी शाळापरस सरकारी अनुदानित शाळांनी धाडपाक महत्व दितात अशे दिसुन आयला. गोंयातल्यो सरकारी शाळा, थंय आशिल्लयो सुविधा, तशचं शिक्षकाचो दर्जो उंचेल्या पावंड्याचो आसा ताका लागुन पालकांनी सरकारी शाळांनी आपल्या भुरग्यांक घालचे अशे आवाहन मुखेलमंत्र दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला. कांय पालकांक आपल्या भुरग्यांचे शिक्षणाचे माध्यम इंग्लिश जाय आसता,ताका लागुन सरकारी अनुदानित शाळेत चड एडमिशनां जातात अशे कारम जांवक शकता अशें म्हणटना, आपल्या मातृभाशेतल्यान मुलावे शिक्षण जावप महत्वाचे आसा , अशे अधोरेखित केला. गोंयच्या सराकरी शाळांनी मराठी आनी कोंकमी सयत इगंलिश हो लेगीत एक विशय तीतक्याच प्रक्भावीपणान शिकयताता अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

Rashmi / ganesh

सुदारीत जीं.एस.टी उपरांत बऱ्योचश्यो वस्तु सवाय जावन त्यो लोकांक परवडपी मोलान मेळटल्यो अशे मत गोंय भाजप प्रदेशअध्यक्ष दामोदर नायक हांणी व्यक्त केला. जाल्यार gst appelate tribunal ह्या वर्सा चालीक लागतली असो विस्वास दामोदर नायक हांणी ह्यावेळार व्यक्त केला. एक देश, एक शुल्क हे तत्वाचेर जीएसटीची मुळ कल्पना आदले प्रधानमंत्री सर्गेस्त अटलबिहारी वाजपेयी हांणी 2000 वर्सा मांडिल्ली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी 2017वर्सा ताची कार्यवाय केली अशें प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हांणी म्हणला.

जीएसटी 8 वर्सां जातकीर गरजेच्या वस्तूंचेर 5 टक्के आनी 18 टक्के अशें दोन स्लॅब दवरून जीएसटी मंडळान सामान्य जनतेक थाकाय दिल्या. विमो, जेवणाच्यो वस्तू, वखदा, शेतीची अवजारां हांचो जीएसटी उणो जाल्ल्यान गरीब मनशाक थाकाय मेळ्या.

जीएसटी उणो जाल्ल्यान विक्री वाडटली आनी येणावळ लेगीत वाडटली. पर्यटना सयत गोंयच्या सगळ्या वाठाराक जीएसटी सुदारणांचो लाव जातलो, अशें दामू नायक हांणी पत्रकार परिशदेत सांगलें. Byte

---

Rashmi

शिक्षकांनी पुस्तकी ज्ञाना वांगडाच विद्‌यार्थ्यांची सर्वांगीण उदरगत करपी मुल्यवर्धक शिक्षण विदयार्थ्यांक दिवप महत्वाचे आसा. विकसित भारत स्वयंपुर्ण गोंय कररतना एक बरी पिढी घडोवपात शिक्षकांची महत्वाची भूमिका आसा, अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ते शिक्षण खात्यावतीन आयोजित ६४ व्या शिक्षक दिसाच्या कार्यावळीत मुख्यमंत्री वशिश्ट गुरु पुरस्कार भेटवण सुवाळ्यात उलयताले. ही कार्यावळ पणजे कला अकादमीच्या मास्टर दिनानाथ मंगेशकार सभाघरात जाली. शिक्षकांनी पारंपारीक शिक्षण पध्दतीन शिकोवपासयत नाविन्य आनी तंत्रगिन्याचो ध्यास घेंवन, तशेच शिस्त, अभ्यासाची गोडी ह्या तत्वांक महत्व दिवंन विद्‌यार्थ्यांक शिकोवचे अशे मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार म्हणला. गोंयच्या कांय सराकरी शाळींनी एक शिक्षकी शाळा आसाता, हो प्रस्न ह्य वर्सा पयली सरकार सुटावो करतले. अशा शाळानी अतिरीक्त शिक्षकाची नेमणुक जातली अशें ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

---

Rashmi

गोंयतले काजुची चव पर्यटकांक तशेंच गोंयच्या नागरीकांक चाखपाक मेळची म्हण आयज गोंय रान म्हामंडळान रान खात्याच्य जोडपालवान गोवन सिलवान केज्यु ह्या ब्रेण्डांचे विक्री केंद्र पणजे कांपला महावीर गार्डनाच्या वाठारात सुरु केला. ह्या विक्री केंद्राचे उक्तावण आयज गोंय रान म्हामंडळाची अध्यक्षा देविया राणे हांच्या हस्तुकी जाले. गोवन सिलवान केज्यु हो गोंय सरकाराचो काजुचो स्वतचो पयलो ब्रेण्ड जांवन आसा अशी म्हायती देविया राणे हिणे दिल्या. अश्यो आनीक आउटलेटी गोंयच्य पर्यटन थळांचेर , तशेंच भौशिक थलांचेर सुरु केला. हे शिवाय नामनेच्य दुकांनानी लेगीत ही काजु पाकीटा उपलब्ध आसात अशी म्हायती देवियान दिल्या.

Dip

गोंय आदिवासी संशोधन संस्थेन गोंयच्या स्वातंत्र्य चळवळीत भाग घेतिल्ल्या आनी जांच्या नावाची आजून मेरेन वळख वा नोंद जावंक ना, अशा अनुसूचित जमातीच्या व्यक्तींची नावां मागयल्यात. फर्मागुडी फोंडे हांगा बांदपात येवपी आदिवासी स्वातंत्र्य सैनिक वस्तुसंग्रहालयांत आदिवासी स्वातंत्र्य सैनिकांची म्हायती प्रदर्शीत करपात येतली.

weather

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चडांत चड तापमान ३० डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर उण्यात उणें तापमान २४ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.

sports

३० व्या राष्ट्रीय १७ वरसां पिराये खालच्या सब ज्युनीयर चले आनी चलयांच्या टेनीस बोल क्रिकेट सर्ती निमतान गोंय टेनीस बोल क्रिकेट संघटनेच्या वतीन गोंयचो पंगड वेंचून काडपा खातीर ६ सप्टेंबराक निवड चांचणी घेवपाचें थारायलां.